Regional news 24 jan 2025 ...7.20pm

**तिळारी मुखेलमंत्री**

महाराष्ट्राचे हद्दींतल्या तिळारी कानालाची दुरुस्ती करपा संबंदी आमी बेगीनूच महाराष्ट्राचे मुखेलमंत्री देवेंद्र फडणवीस हांकां मेळटले अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगलें. शुक्रारा तांणी तिळारी कानाल, साळ बंदारो, आमठाणें धरण संबंदी चालू आशिल्ल्या वेगवेगळ्या उदरगतीच्या कामांचो नियाळ घेतलो. ह्या वेळार उदका पुरवण खात्याचे मंत्री सुभाष शिरोडकार, आमदार डॉ. चंद्रकांत शेट्ये, मुखेल अभियंतो प्रमोद बदामी आनी हेर अधिकारी हाजीर आशिल्ले.

महाराष्ट्राचे हद्दींतलो सुमार 30 किमी लांबायेचो तिळारी कानाल परतून परतून इबाडटा. हाचो परिणाम गोंयच्या उदका पुरवणाचेर जावपाक लागला. ह्या कानालाची

दुरुस्ती करपाची गरज आसा. हे खातीर आमच्या उदका पुरवण खात्याच्या अधिकाऱ्यांनी महाराष्ट्रांतल्या अधिकाऱ्यां कडेन चर्चा सुरू केल्या. हाचे उपरांत हांव आनी मंत्री सुभाष शिरोडकार आनी हेर अधिकारी महाराष्ट्राच्या मुखेलमंत्र्यांक मेळटले. ह्या वेळार तिळारी संबंदी संयुक्त बसका घेवपाचेरूय आमी चर्चा करतले अशें मुखेलमंत्र्यांनी सांगलें.

गोंयचे शिमे भितरल्या 28 किमीच्या तिळारी कानालाचे दुरुस्तीचें काम चालू आसा. 128 कोटी रुपया मंजूर केल्यात. पांच वर्सां खातीर कानालाची देखरेख

आनी दुरुस्तीची जापसालदारकी कंत्राटदाराची आसा, अशे मुखेलमंत्री, डॉ. प्रमोद सावंत हाणी सांगले.

गोंयच्या शिमे भितरल्या 30 किमी मदल्या १५ किमी कानालाच्या दुरुस्तीचें काम पुराय जाला. ह्या प्रकल्पा खातीर गोंय सरकारान 128 कोटी रुपया खर्च केल्यात.

फुडल्या पांच वर्सां खातीर कालव्याची दुरुस्ती आनी देखरेख कंत्राटदार करतले. गोंयांतले भशेन महाराष्ट्रांतय कानाल कॉँक्रिटीकरण केल्यार कानालांक बुराक पडप बंद जातले. अशें कॉँक्रिटीकरण करपा विशीं आमी महाराष्ट्र सरकारा कडेन उलोवणी करतले, अशे ताणी सांगले.

2 **मुखेलमंत्री**

संस्कृत भाषेच्या  शिक्षणा खातीर आनी संवर्धनाखातीर राज्य सरकार फावो ती पावलां उखलतले अशें मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी सांगले. ते आयज पणजेंत सव्या संस्कृत लघुपट सर्त महोत्सवाच्या उक्तावण सुवाळ्यात उलयताले. संस्कृत विषय शिकोवपाक कायम स्वरूपा  शिक्षकांची नेमणूक करतले अशेंय मुखेलमंत्र्यांनी सांगले. संस्कृत फिल्म महोत्सवाक उपाट प्रतिसाद लाबला म्हूण तांणी खोस उक्तायली.

**3 गोंयच्या सांस्कृतीक पंगडाक पयले इनाम**

संरक्षण मंत्रालयान प्रजासत्ताक दीस सुवाळो -2025 निमतान राष्ट्रीय रंगशाळा शिबीर, कॅन्ट दिल्ली हांगा आयोजीत सांस्कृतीक कार्यक्रमात गोंयच्या सांस्कृतीक पंगडाक पयले इनाम फावो जाले. गोंयचो सांस्कृतीक पंगड गोंय सरकाराच्या म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्याचे प्रतिनिधीत्व करता. सांस्कृतीक कार्यक्रमात 15 राज्यां आनी 6 मंत्रालयांनी वाटो घेतला.

गोंयच्या सांस्कृतीक पंगडान पारंपरीक दिवली नाच सादर केलो. परिक्षक आनी प्रेक्षकांनी गोंयच्या पंगडाची तोखणाय केली.

पंगडांत देवेंद्र जल्मी, दिनेश प्रियोळकर, विराज केरकर, धिरज केरकर, गौतम केरकर, धिरज गावडे, प्रथमेश गावडे, श्रेयश केरकर आनी निहल सांबारी हांचो आस्पाव आसा.

4.रायबंदरची फेरी सेवा दुसऱ्या धक्क्याचेर स्थलांतर

न्हंय येरादारी खात्यान रायबंदर हांगाच्या फेरी धक्क्याचे दुरूस्ती काम सूरू केला आनी त्या खातीर 24 जानेवारी ते 15 फेब्रुवारी 2025 मेरेन रायबंदरच्या दुसऱ्या फेरी धक्क्यावयल्यान फेरीसेवा चालू आसतली.

5.प्रजासत्ताक दिसा राजभवन  उद्यानात लोकांक प्रवेश

भारतीय प्रजासत्ताक दिसानिमतान 26 जानेवारी 2025 दिसा राजभवन इमारतीचो दर्शनी भाग, कुशीची इमारत आनी उद्यानात रोशणाय करपात येतली. ही रोशणाय पळोवपाक लोकांक 26 जानेवारी  दिसा सांजेची 7.15 ते रातची 9.00 मेरेन राजभवन उद्यानात  प्रवेश दितले.

फोटो वळखपत्र दाखयल्या उपरांत लोकांक मुखेल प्रवेश गेटीतल्यान प्रवेश दितले.लोकांक इमारतीत वा कार्यालयांत प्रवेश आसचो ना. तशेंच सुरक्षेच्या कारणांक लागून नागरिकांनी हॅण्डबॅग, ब्रिफकेस, कॅमेरा, शस्त्रां, आदी वांगडा हाडची न्हय.

6' सायबर सुरक्षीत गोंय

' सायबर सुरक्षीत गोंय ' ह्या कार्यावळीखाला सगळ्या माध्यमिक आनी उच्च माध्यमिक शाळांनी २६ जानेवारीक दिसा प्रजासत्ताक दिसाच्या कार्यावळी वांगडाच 'सायबर सुरक्षे ' विशीं‍चे व्हिडीयो विद्यार्थ्यांक दाखोवंचे अशें गोंय पुलीसांनी मांगलां. 'सायबर सुरक्षीत गोंय मोहिमेखाला गोंय पुलीसांनी सगळ्यांक समजूपी कोंकणी भाषेत सायबर सुरक्षेविशी व्हिडीयो तयार केल्यात. हे व्हिडीयो विद्यार्थांमदी पावले जाल्यार ते आपसूकूच तांच्या आवय - बापाय कडे तें पावतले आनी

सायबर सुरक्षेचे शिक्षण सगळ्यांक मेळटले अशें गोंय पुलीसांनी म्हळां. राज्य शिक्षण प्रशिक्षण संस्थेन ह्या विशीं सगळ्या शाळांक कळीत करून सायबर गुन्यांव विभागाच्या पुलीस अधिक्षकांनी धाडील्ले जागृताय व्हिडीयो विद्यार्थ्यामेरेन पावोवंचे अशें मांगलां.

7 कार्यशाळा

शिरोडा हांगाच्या शिक्षकां खातीर शिक्षणीक साहित्य कार्यशाळासंपन्न जाली.गांवांतल्या माध्यमीक शिक्षकां खातीर शिक्षणीक साहित्य तयार करपा खातीर आनी सादर करपाची ही कार्यशाळा कामाक्षी विद्यालयात जाली . हातुंत डॉक्टर सखाराम गुडे विद्यालय, श्री कामाक्षी विद्यालय, सेंट अँथनी विद्यालय आनी स्कूल ऑफ सिम्बायोसिसांतले शिक्षक हांणी वांटो घेतीलो, निवृत्त विज्ञान शिक्षक वामन खांडेपारकर मुखेल सोयरे म्हूण हाजिर अशिलले तशेच अध्यक्ष म्हणून कामाक्षी

हायस्कुलाची प्राचार्य नीलीमा सरसोलकर हाजिर आशिल्ले. संस्थेचे अध्यक्ष श्री पद्मनाम प्रभु देसाय हांणी येवकार दिलो आनी कार्यशाळेचो हेतू सांगलो, वामन खांडेपारकरान आपल्या भाशणांत आपल्या भोंवतणच्या ल्हान ल्हान गजालींचो शिक्षणीक साहित्य म्हणून वापर करून तांकां शक्य आसा तश्या उदाहरणांनी शिक्षकांक मार्गदर्शन केलें, कामाक्षी विद्यालयाच्या मुख्याध्यापक हांणी संस्थेक परबीं दिली आनी अशी कार्यावळ घडोवन हाडपा खातीर माध्यमीक शिक्षक संघटनेची तोखणाय केल. विज्ञान इंग्लिश, हिंदी, मराठी या विषयाचेर शैक्षणिक साहित्य शिक्षकांनी सादर केले.ह्या काऱ्यक्रमाचें सूत्रसंचालन सचिव प्रकाश आनंद नाईक तर श्री शशिकांत फडके हांणी उपकाराचे उलोवप केलेकार्यक्रमाक संघटनेचे नरसिंग पाटील ,प्रल्हाद जोशी, संतोष नाईक, विलास प्रभू हे सदस्य तसेच पालक विद्यार्थी हाजिर आशिले

8गोंय विद्यापीठान

गोंय विद्यापीठान ICSSR, नवी दिल्ली हांणी विकसीत भारत-2027 येवजणे खाला पुरस्कृत “Enhancing Renal Health: Exploring Environmental Factors and Socio-economic Determinants in Goa” ह्या विशया वयल्या संशोधन प्रकल्पाचेर काम करपाक एक संशोधन वांगडी, एक संशोधन सहाय्यक आनी एक फिल्ड इन्वेस्टिगेटर पदाच्या सुवाते खातीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयल्यात. संशोधन वांगडी पदाखातीर उमेदवारा कडेन प्रकल्पाच्या संशोधन विशयात एम.ए वा NET/M. Phil./Ph.D. सयत कमीत कमी 55 टक्के गुणांसयत खंयच्याय समाजशास्त्रातली पात्रताय आनी दोन वर्सां संशोधनाचो अणभव आसपाक जाय. म्हयन्याक 47,000/- रूपया शिश्यवृत्ती पालव दितले.

संशोधन सहाय्यक पदाखातीर उमेदवारा कडेन प्रकल्पाच्या संशोधन विशयात पीएचडी/एमफील/पदव्युत्तर वा कमीत कमी 55 टक्के गुणांसयत खंयच्याय समाजशास्त्रातली पात्रताय आसपाक जाय. म्हयन्याक 37,000/- रूपया शिश्यवृत्ती पालव दितले.फिल्ड इन्वेस्टिगेटर पदाखातीर कमीत कमी 55 टक्के गुणांसयत समाजशास्त्रातली पदव्युत्तर पात्रताय आसपाक जाय. म्हयन्याक 20,000/- रूपया शिश्यवृत्ती पालव दितले. इत्सुक आनी पात्र उमेदवारांनी मुलाखती खातीर 31 जानेवारी 2025 दिसा सकाळी 10.00 वरांचेर समाजशास्त्र विभाग, डी. डी. कोसंबी समाजशास्त्र आनी वागणूक शास्त्र स्कुल, गोंय विद्यापीठ हांगा सीव्ही आनी प्रमाणपत्रां आनी दाखल्यां सयत उपस्थित रावचे. तशेंच इत्सूक आनी पात्र उमेदवारांनी आपलो अर्ज डॉ. अरविंद एन. हळदणकर

(arvindhaldankar@unigoa.ac.in) हांका 29 जानेवारी 2025 सकाळी 11.30 मेरेन धाडचो.